*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**सरकारी अधिकाऱ्यांनी आपूण लोकसेवक आशिल्ल्याची जाणीव दवरपाक जाय- मुख्यमंत्री**

ता. 28 ऑक्टोबर 2019

सरकारी अधिकाऱ्यांनी आपूण लोकसेवक आशिल्ल्याची जाणीव दवरून काम करपाची गरज आसा आनी तशा नदरेतल्यान तांणी आपले काम केले जाल्यार दक्षताय प्रकरणां नक्कीच कमी जातली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सचिवालयांत दक्षता खात्यान आयोजीत केल्ल्या दक्षता जागृताय सप्तक कार्यक्रमात उलयताना सांगले. कार्यक्रमाक सरकारी खात्यांचे प्रमुख आनी अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

डॉ. सावंत हांणी फुडे म्हणले, सरकारी अधिकाऱ्यांच्या भ्रश्टाचाराक लागून देशाच्या सामाजीक, आर्थिक आनी राजकीय उदरगतीक आडमेळी येतात. सरकारी प्रशासनात प्रामाणिकपणा, पारदर्शकता खुप म्हत्वाची आसा. सरकाराक इत्सा आसा, पूण जर अधिकारी वर्गाक ती नासत जाल्यार राज्याच्या प्रगतीक बादा येतली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

सुरवातीक दक्षता खात्याचे संचालक श्री. संजीव गावस देसाय हांणी दक्षता खात्याच्या कामाची म्हायती दितना दक्षता प्रकरणांखातीर ऑनलायन सेवा सूरू करपाचो प्रस्ताव आसून त्या खातीर कार्मिक खाते आनी म्हायती आनी तंत्रज्ञान खात्यावांगडा सल्लामसलत चालू आशिल्ल्याचे सांगले. दक्षता प्रकरणां ऑनलायन स्विकारून चवकशी बेगीन पुराय करपात येतली, अशें तांणी सांगले.

प्रधान सचीव ( वीज) श्री. पुनित कुमार गोयल हांणी एकात्मतेचो सोपूत दिलो. एकात्मता- जीणेचो एक मार्ग अशी ह्या वर्साच्या दक्षता जागृताय सप्तकाची संकल्पना आसा. 2 नोव्हेंबराक सप्तकाचो समारोप जातलो. हो सप्तक सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या जयंतीचो एक भाग आसा.

भ्रश्टाचार विरोधी शाखेचे ( दक्षता ) पुलीस अधिक्षक शोभित सक्सेना हेवूय ह्या वेळार हजर आशिल्ले. श्री. शशिकांत कामत हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/751

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA